वि . वि . म

रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमिक विद्यालय
कोंब मडगांव गोंय

# SECOND TERM EXAM MARCH 2022

यत्ता: अकरावी
तारीख: २८.०३.२०२२

विशय: कोंकणी

वेळ: १ १/२ वरां
गूण: ४०

---

सुचवण्यो:

१.दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
२. प्रस्न आनी उप प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
३. सगले प्रस्न बरोवप गरजेचे .
४. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे वट्ट गूण थरचे.

---

प्र.१.क. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विधानाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण बरयात. (५)

अ . "तुजो अशे गजालीचेर विस्वास आसा?".
आ. "हांगा ॲटक जातात."

ख. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप ८ ते १० उतरांनी बरयात: (१)

अ. फाटल्यान बशिल्ल्या प्रवाशांचे लेखकाविशी बरें मत कित्याक जाले?
आ. किडकिडीत मनशाक पळयतकीच गोंयकार कितें म्हणटा?

ग. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप ४० ते ४५ उतरांनी बरयात: (३)

अ. नेल्सन मंडेलाचे भेटेचें वर्णन बरोवप्यान कशें केलां?
आ. ओपारींचो आनी बरोवप्याचो संबंद कसो आसा?

प्र. २.क. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका अवतरणाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. (४)

अ. आमकां व्हडवीक पेजे वांगडा
रातचे शेळे कडयेची
भरभरीत कुयां घाल्ल्या
दाट पातळ आमीलीची!

आ. तुमचीय भुरगी
   त्रिकोनी घरां रचतली
   तेन्ना
   तुमकां येवन रावचेखातीर.

ख. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>एका</u> प्रस्नाची जाप सुमार ५ ते ६ वळींनी बरयात : (३)

अ. ' होंवी' कवितेंत चली बापायक कितें सांगता?

आ. ' चवथो कोनसो घराचो' हे कवितेंतल्यान कवी कसली खंत परगटायता?

प्र.३.क).खंयच्याय [illegible] भाववाचक नामां बरयातः (१)

क) स्वतंत्र   ख) वांगड

ख).खंयच्याय दोनांची विशेशणां करातः (२)

क) श्रध्दा   ख) समाज   ग) जैत

ग).खंयच्याय एकाचे उरफाटे अर्थाचे उतर बरयात : (१)

क) प्रत्यक्ष   ख) म्हारग

प्र.४ क) सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. (२)

कितल्याशाच विदेशी विमान कंपन्यांची विमानां ......जोहन्सबर्गाचो विमानतळूय मोटो ...... पूण केप टावनाचो ल्हान न्हय.

(नासप, थांबप, मेळप, आसप)

ग. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>चार</u> ओपारीचे अर्थ बरयात. (४)

अ) आयज म्हाका फाल्यां तुका

आ) मानल्यार देव नाजाल्यार फातर

इ) चोराच्या मनांत चान्ने

ई) भुरग्याचे पांय पाळण्यांत दिसतात

उ) माजराचो खेळ हुंदराचे मरण

प्र.५ क. सकयल दिल्ली जायरात वाचून रीमा/संजय च्यारी, घर नं.१०९ ,नायकावाडो, कळंगूट गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून सकयल बरयात. (४)

| गरज आसा |
| --- |
| बॅंक मॅनेजर<br>शिक्षणीक पात्रतायः बी.कॉम<br>संगणक विशयाचे गिन्यान<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान<br>अणभव : एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्क:मुख्य अधिकारी<br>सारस्वत बॅंक<br>पणजी गोंय |

**प्रस्न ५.ख. सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात**

हिमालयाची यात्रा करून आयिल्लो मनीस आदले सारको केन्ना उरच ना. हिमालयांत ताका एक नवो जल्म मेळटा.येतना तो फकत सौंदर्यच काळजांत भरून घेवन येना.मनांत अध्यात्मूय भरून हाडटा. जें दिश्टी पडटा ताच्या मुळांत जें आसा ताची हिमालय ताका सगल्यांत पयली वळख करून दिता आनी संवसारा कडेन पळोवपाची एक नवी नदर घेवन मनीस परतो येता. हिमालयांत वतल्या मनशान सगल्यांत पयली भूत आनी भविश्य हांच्या प्रभावांतल्यान आपणाक मेकळो करून वचूंक जांय. तकलेर फाटल्या काळांतल्या कोडू गोड अणभवांचें वा उगडासांचे वजें आसूंक जायना. तशेंच फुडाराच्या रंगरंगयाळया सपनाचेंय आसूंक जायना.

प्रस्नः

१. हिमालयाची यात्रा करून आयिल्लो मनीस आदलो सारको कित्याक उरना? (१)
२. हिमालयांत भोवंडी केल्लो मनीस कसली नदर घेवन परतता? (१)
३. हिमालयांत वतल्या मनशान आपणाक खंयच्या प्रभावांतल्यान मेकळे करून वचूंक जांय? (१)
४. उतान्याक फावो सारको माथाळो दियात . (१)

प्र.६ .सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार १५० उतरांनी निबंद बरयात. (६)

१. आयचें शिक्षण आमकां खंय व्हरता?
२. हांव शिक्षण मंत्री आशिल्लो जाल्यार
३. मोडक्या घराची आपजीण
४. शॉपिंग मॉलांत एक वर

* * * * *